राज्यांत उद्देजकतेचें प्रशिक्षण दिवन नवनिर्मिती आनी उद्देजकतेचें वातावरण तयार करपा खातीर सरकारान मुखेलमंत्री स्वयं रोजगार येवजण सुरू केल्या. प्रशिक्षणाची पयली कार्यशाळा २६ ते २९ नोव्हेंबर मजगतीं जातली, अशी माहिती मुखेलमंत्र्यांच्या कार्यालयान दिल्या. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी 12 नोव्हेंबराक येवजणेचे उक्तावण केल्ले. ईडीसी वरवीं हे येवजण राबयतले . २०३० मेरेन स्टार्ट अप आनी उद्देगां खातीर फाव ते वातावरण आणि सुविधा उबारपाची मोख आसा, अशी म्हयती ईडीसीच्या अधिकाऱ्यांनी दिली. आयटीआय, पॉलीटेक्नीक आनी हेर महाविद्यालयांतल्या प्राध्यापकांक उद्देजकताये विशीं प्रशिक्षण दितले. वर्साक ३०० जाणांक हें प्रशिक्षण दितले. स्टार्ट अप्स आनी इन्कुबेशन सेंटरची म्हायती दितले. उपरांत ६ म्हयने ते १ वर्सा मेरेन अदीं मदीं कार्यशाळा तशेंच प्रशिक्षण शिबीरां जातलीं.

म्हायती आनी प्रसिद्धी खात्यातर्फे जावपी राष्ट्रीय पत्रकारीता दिसाच्या कार्यावळीत पाच ज्येश्ट पत्रकारांचो भोवमान मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकी जातलो. हे वेळार पत्रकारिता मळावेल्या पुरस्कारांचेय वाटप जातलें. म्हायती खात्याचे सचीव सरप्रीतसिंग गिल हे मानाचे सोयरे म्हूण हाजीर आसतले. ज्योएल आफोंसो, जय नायक, अतुल पंडीत, बबन भगत, नंदेश कांबळी हांचो पत्रकारितेल्या योगदाना खातीर भोवमान जातलो. नामनेचे व्यंगचित्रकार अलेक्झी हांचो जीणेगौरव पुरस्कार दिवन भोवमान करतले. तशेच पत्रकारिता आनी छायाचित्रकला पुरस्कारांय भेटयतले. ताचे आदी पत्रकारितेतल्या बायलां मुखार आव्हाना आनी संद हे विशयाचेर चर्चासत्र जातलें.

**गोयातल्या वायरलेस मॉनिटरिंग स्टेशनान अल्टो पर्वरि त्यांच्या नवीन समर्पित इमारतीचे उक्तावण केले . दूरसंचार विभागाच्या अंतर्गत येवपी या सुविधेचे उक्तावण शुक्रारा वरिष्ठ अधिकारी एन. के. भोला आणि नरेंद्र भारती यांनी केले. आकाशवाणी आणि सीपीडब्ल्यूडीचे प्रतिनिधीय उपस्थित आशिल्ले. हे नवीन केंद्र भारताच्या पश्चिम दयादेगेवेल्या रेडिओ स्पेक्ट्रम मॉनिटरिगाक व्हड चालना दिता. १९७२ त स्थापित, डब्ल्यूएमएस, गोवा पोलिस, विमान येरादारी, कोकण रेल्वे आणि सागरी सेवां सयत प्रमुख क्षेत्रा खातीर हस्तक्षेपमुक्त संप्रेषण सुनिश्चित करता. ते HAM रेडिओ परीक्षाय आयोजित करताआणि सिग्नल समस्यांचेर भौशिक कागाळींचे निराकरण करता. सुधारित मुळाव्यां सुविधां क लागुन पुराय गोयात सुरक्षा, विश्वासार्हता आणि आपत्कालीन संप्रेषण वाडतले**

सेवा आनी बलिदानाक भावपूर्ण श्रद्धांजली म्हूण २ एसटीसीन बांबोली लश्करी स्टेशनाचेर ईएसएम रॅली घडोवन हाडली. ह्या काऱ्यक्रमांत वीर माता, वीर नारी, वरिश्ठ माजी सैनिक आनी सन्मानित कामगिरी करपी सैनिकसयत 350 वयर माजी सैनिक एकठांय येवन अभिमान, एकता आनी कृतज्ञता व्यक्त केली. मुखेल सोयर म्हूण अध्यक्षपदार कमांडर 2 एसटीसी आनी स्टेशन कमांडर ब्रिगेडियर हर्ष भाटिया हांणी हो भौमान करून  रॅलीत  उलोवप केलें. सेवा संबंदीत प्रस्न बेगीन सोडोवपा खातीर कागाळ  निवारण कक्ष,  विशेषज्ञ जतनाय आनी कल्याण सेवा दिवपी वैजकी शिबिर, भलायकी सेवाची उपलब्धताय सुनिश्चीत करपीECHS सुलभताय केंद्र आनी दुसऱ्या अर्थपूर्ण कारकिर्दी खातीर माजी सेवकांक सशक्त करपा खातीर करिअर आनी नोकरी संद काउंटर हांची  खातीर ह्या रॅलींत आस्पाव आशील्लो

धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियमा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणेकडेन फावो ते सगळे परवाने आसा. मात स्टेडियम उबारपाचो जागो आजून निश्चीत जावंक ना, अशें गोंय क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष महेश देसाय हांणी सांगलें. धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो मुळावो वावर सुरू जाला, अशें तांणी सांगले. बायलां क्रिकेटी खातीर नेहा तन्वर हांची प्रशीक्षक म्हूण नियुक्ती जाल्या. हाका लागून बायलां क्रिकेटीक उर्बा मेळटली, अशी आस्त तांणी उक्तायली.

शाळेच्या वाठारां भितर हेडग्यां सुण्यांचेर नियंत्रण दवरपा खातीर सद्या कसल्यो उपाय येवजण्यो केल्यात हे विशींची अहवाल शिक्षण खात्यान मागयला. आज हो अहवाल शिक्षण संस्थेच्या सगल्या मुख्याध्यापकांनी शिक्षण संचालनालयाक धाडचो अशें संचालक शैलेश झिंगडे हांणी मागला. सर्वोच्च न्यायालयाच्या  आदेशाक पाळो दित शाळांचे सुवातेत बेवारशी सुणीं भितर सरची न्हय हे खातीर योग्य ती जतनाय घेवची, शाळेच्या सरभोंवतणचो वाठार नितळ दवरचो आनी शाळे कुशीक सुण्यांची वस्ती आसा कांय ना ते पळोवपा खातीर तीन म्हयन्यांन एकदा तरी नियाळ घेवचो, अशें निर्देश शिक्षण संचालनालयान परिपत्रक काडून सगळ्या मुळावी, सरकारी, अनुदानीत आनी बिगर अनुदानीत शाळांक दिल्यात .

धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियमा खातीर गोंय क्रिकेट संघटणेकडेन फावो ते सगळे परवाने आसा. मात स्टेडियम उबारपाचो जागो आजून निश्चीत जावंक ना, अशें गोंय क्रिकेट संघटणेचे अध्यक्ष महेश देसाय हांणी सांगलें. धारगळ हांगा क्रिकेट स्टेडियम उबारपाचो मुळावो वावर सुरू जाला, अशें तांणी सांगले. बायलां क्रिकेटी खातीर नेहा तन्वर हांची प्रशीक्षक म्हूण नियुक्ती जाल्या. हाका लागून बायलां क्रिकेटीक उर्बा मेळटली, अशी आस्त तांणी उक्तायली.

आयतारा गोंयच्या अरपोरा हांगाच्या रिसॉर्ट रिओ हांगा जाल्ल्या 2025 वर्साच्या फिडे वर्ल्ड चॅम्पियनशिपाच्या टाय ब्रेकांत मेक्सिकोच्या जोसेफ मार्टीनेजान पेन्ताला हरिकृष्णाक हारयलो आनी तो 24 वांगड्याच्या भारतीय पंगडाचो सर्तींतल्यान भायर सरपी 23वो खेळगडो थारलो. ताचे आदीं जाल्ले पांचवे क्लासिकल मॅचींत अर्जुन एरिगायसीन जीएम लेव्हन एरोनियन हांचे आड मॅच जिखून संवसारीक सर्तीच्या क्वार्टर फायनलींत सुवात मेळयली आनी फुडें वचपी पयलो भारतीय थारलो. उपांत्य फेरयेची सवी टप्प्याची सुरवात आज  जातली आनी यजमान राष्ट्रा खातीर अर्जुन हो एकूच आस्त आसा.

पणजी वेधशालेन दिल्ले म्हायती प्रमाण चडांत चड तापमान 33.2अंश सेल्सिअस आनी उण्यांत उणे 20,5अंश सेल्सिअस नोंद जालां. राज्यांत कांय जाग्यांचेर शीं तशेंच फांतोडेर धुकें पडपाचो अदमास हवामान खात्यान परगटायला.